Panaji regional news

18.05.2025..7.20pm

**शंखनाद महोत्सवांत**

फोंडा – सनातन राष्ट्र शंखनाद महोत्सवांत छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या काळांतल्या शस्त्रांचें प्रदर्शनाचो लाव गोयकारानी घेवचो. फुडाराक अशें प्रदर्शन पळोवप क्वचितच मेळतेले. हें प्रदर्शन 22 मे मेरेन सगळयां खातीर उक्तें आसा. हें प्रदर्शन पळोवन तुमचें गिन्यान नक्कीच वाडटलें. ह्या प्रदर्शनांत शिवाजी महाराजान स्वराज्य आनी हिंदू राष्ट्रा खातीर केल्ल्या वावराचे पुरावे मेळटात. अशे मत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हें प्रदर्शन पळेल्या उपरांत उक्तायलें. आक्रमकांनी पुर्विल्ली संस्कृताय नश्ट करपाचो यत्न केलो तरी आयजमेरेन ती तिगून उरल्या. हिंदू राष्ट्राचो अभिमान म्हळयार राममंदिर. सगले संत एकठांय येवन सनातन राष्ट्राच्या वावराक मुखार येतात, आतां आमी जापसालदारकी घेवन सक्रीय जावंक जाय. अशे गोंय भाजपाचे प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक हांणी सांगलें. म्हज्याच मतदारसंघांत राष्ट्र आनी हिंदू धर्म पळोवपी दोन संघटना आसात हाचो म्हाका अभिमान आसा. सनातन संस्था बंदिवाडे पंचायतींत आसा, जाल्यार दुसरी संस्था कुंडई पंचायतींत आसा. सनातन संस्था आनी परम पूज्य ब्रम्हेशानंद

महाराज मठ  ह्या दोनूय संस्थांच्या मुखेल्यांनी गोंयची वेगळया संवसाराची वळख करून दिली. राष्ट्राक मुखार वचपाचें आसल्यार सगळया धर्मांतले लोक एकठांय येवचे हे खातीर ही संस्था वावुरता.  आतां आमी एकवटीत हिंदू राष्ट्रा खातीर वावुरपाक जाय. सनातन संस्थेन गोंयाक वेगळीच वळख दिवपाचो यत्न केलो! हें मत वीज मंत्री सुदीन ढवळीकार हांणी उक्तायलें.

**म्हजी बस येवजण'**

राज्य सरकारन 'म्हजी बस येवजण' कांय बदलां सयत आता नव्यान अधिसुचीत केल्या. २०२३ वर्सा सावन ही येवजण चालू आसा. नवे येवजणेंत खाजगी बसधनयांक आदले परस

अदीस सुविधा दिल्यात. हे प्रमाण बस चालकांक प्रती किलोमीटर ३ रुपया अनुदान, विम्यांतलो ५० टक्के निधी तशेंच नवी बस घेवपा खातीर १० लाख रुपयां मेरेन मजत मेळटली. आदले प्रमाण चालकांक तिकेट विक्रेंतलो वांटो कदंबाक दिवचो पडचोना.येरादारी खात्यान हालींच अधिसूचीत केल्ले येवजणे प्रमाण गरजेचे परवाने आशिल्ल्या बस चालकांक हे येवजणेचो लाव घेवपाक मेळटलो. अर्जदार गोंयचे नोंदणीकृत बस धनी आसप गरजेचें. बस चालकांक तांच्या बसींचेर दाखोवपी जाहिरातींतल्यान मेळपी उत्पन्नाची ५० टक्के रक्कम कदंब महामंडळ प्रशासकी आनी हेर खर्चा खातीर राखून दवरतले.

हे येवजणे खाला कदंबा म्हामंडळाचो स्मार्ट ट्रांझिट पास आनी स्मार्ट ट्रांझिट कार्ड सगल्या बशींनी वैध भाडें म्हणून मान्य करतले. ह्या पास आनी कार्डां वरवीं एकठांय केल्ली रक्कम म्हामंडळान थारायिल्ल्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण त्या त्या संचालकांक परत दितले.

## सर्वानंद सोनोवाल

दर्यावेल्या मळार बायलांक सशक्त करप ही फकत इक्विटीची गजाल न्हय, तर ह्या क्षेत्रांत नवनिर्माण, लवचीकपण आनी वाड घडोवन हाडपा खातीर एक रणनिती अत्यावश्यक अशें केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी आयज सांगलें. आयज मुंबयंत दर्यावेल्या बायलां खातीर आंतरराष्ट्रीय दिसाचो उक्तावण सुवाळयांत ते उलयताले. “दर्यावेल्या बायलांक: रुपांतर आनी टिकावूपणाची फुडारपण करप” ह्या विशयांतल्यान घडोवन हाडिल्ल्या ह्या कार्यावळीचो

हेतू दर्यावेल्या क्षेत्रांतल्या सगळया वाठारांनी बायलांक चड सहभागाची प्रेरणा दिवप, येसस्वीपणाची परब मनोवप, आव्हानांक तोंड दिवप. ह्या कार्यक्रमांत दर्यावेल्या क्षेत्रांतले फुडारी, वेवसायीक आनी बदल करपी लोक एकठांय आयले. ह्या कार्यक्रमांत मानेस्त, वरिश्ठ सरकारी अधिकारी, दर्यावेले वेवसायीक, आनी जहाज कंपनींचे, बंदर अधिकारी, शिक्षणीक संस्थांचे आनी आंतरराष्ट्रीय संघटनांचे प्रतिनिधी हांचो सक्रीय वांटो आशिल्लो.

## Cashew fest

आफ्रीका उपरांत संसारात काजुची चड पिकावळ  गोंयांत घेतात.ताका लागुन गोंयच्या काजु पिकावळीक उर्बा दीवपाक गोंय सरकार महत्व दीता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत

हांणी म्हणला. तिसऱ्या cashew fest चे उक्तावण केले उपरांत मुखेलमंत्री उलयतालो.explore , empower and enrich ह्या संकल्पनेवरवी पणजे कांपाल डी.बी .बांदोडकर मैदानाचेर 17-18 मे आयोजीत केला.गोंयचो काजु आनी काजवापासत तयार जावपी जिन्नस,पेय,तशेच हेर वस्तु संसारभर फामाद आसा अशे ह्यावेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.जाल्यार गोंयचो काजु हो कीतल्याश्याच शेतकाराचे उत्पन्नाचे स्तोत जांवन आसा,गोयच्या ह्या पिकावळीक व्हड माची दीवपाच्या नदरेतल्यान गोय रान म्हामंडळ काम करता अशी म्हायती ह्यावेळार ह्या म्हामंडळाची अध्यक्षा दोतोर देविया राणे हीणे म्हणला.ह्यावेळार रान मंत्री विश्वजीत राजे तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

## शिबिर आयोजित

199

फोंडा हांगाच्या आदर्श सेवा फावंडेशनान "आयकेअर ऑप्टिकल" (मार्सेल) आनी ऍडव्हान्सड डेंटल क्लिनिक आनी कॉस्मेटिक्स हांच्या सहकार्यान फुकट दोळे आनी दंत तपासणी शिबिर आयोजित केल्ले . ही कर्यावळ वाघुर्मे पंचायत सभागृहात आयज जाली. ह्या वेळेवर जालल्या कार्यावाळीत आदर्श सेवा फावंडेशनाचे संचालक आदर्श तोरास्कर, मुखेल सोयरी म्हूण वेरे-वाघुर्मेची सरपंच श्रीमती शोभा पेर्नी, ऑप्टीशियन. ममता खेडेकार, डॉ मानसी राणे आदी मानेस्त हाजिर अशिल्ले .ह्या वेळार उलयतना आदर्श तोरास्करान बायलांक सशक्त करांत आनी देशाक बळवंत करपाक यत्न करांत अशे आवाहन केलें. तशेंच आदर्श सेवा फाउंडेशन तरेकवार सामाजिक संघटनांच्या सहकारान वेगवेगळे उपक्रम आनी उपेगी अशे जायते कार्यक्रम सतत चालीक लायता अशें तांणी सांगलें. बायलांक सशक्त करपा खातीर तांकां कला आनी कुशळटाये वरवीं वेगवेगळया प्रकारचें प्रशिक्षण दितात आनी ताचेर आदारून तांकां स्वताचो उद्देग वेवसाय उबारूंक मेळटा आनी पर्यायान, स्वताक सशक्त करून, तांचें घर, गांव आनी देश सशक्त जातात अशे म्हळे.

मुखेल सोयरी वेरे-वाघुर्मेची सरपंच I शोभा पेर्नी हानी आपल्या उलोवपात आयज जायत्यो बायलो आपल्या कलाकुशळटायेचो उपेग करून उद्देगीक क्षेत्रांत उंच उबी रावपाक लागल्यात आनी भारत सरकारानय बायलांक सशक्त करपा खातीर वेगवेगळे उपक्रम चालीक लायल्यात अशी म्हायती दिली .आदर्श सेवा फाउंडेशन आरोग्य आणि हेर सामाजिक पावंड्यार बरे काम करता अशेय तानी म्हळे.

65 वयर व्यक्तींक ह्या उपक्रमांतल्यान फायदो जालो. ह्या वेळार गरजेवंतांक फुकट चश्मे दिले.

## जगदीप धनखर

राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री हांणी उपराष्ट्रपती जगदीप धनखराक ताच्या वाडदिसाक येवकार दिला. सोशल मिडिया पोस्टांत राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी तांकां बरी भलायकी आनी राष्ट्राचे सेवेंत खूब वर्सां काम करपाचीं कामना केल्या.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत म्हणलां, श्री धनखराक संविधानाचें प्रचंड गिन्यान मेळ्ळां, जें ताच्या वर्सांच्या वर्सांच्या वावरांतल्यान एक मुखेल वकील म्हणून दिसून येता.राज्यसभेची उत्पादकता वाडोवपा खातीर उपाध्यक्ष आनी वयल्या सभाघराच्या अध्यक्षान तोखणायेचे यत्न केल्यात अशें तांणी सांगलें. प्रधानमंत्र्यान म्हणलें, समाजाची सेवा करपा कडेन ताचीय आवड अफाट आसा. श्री धनखराक दीर्घ आनी भलायकेन भरिल्लें आयुश्य मेळचें अशीं कामना तांणी केल्या.

## देवेगौडा

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आदले प्रधानमंत्री एच.डी. एचडी देवेगौडाएचडी देवेगौडा यांना त्यांच्या वाढदिवसानिमित्त शुभेच्छा दिल्या सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें, श्री देवेगौडाचे राज्यकर्तेचे पद्तीन आनी लोकसेवे कडेन आशिल्ले आवडी खातीर सगळेकडेन मान आसा.

श्री देवेगौडाची बुद्धी आनी जायत्या विशयांचेर आशिल्ली अंतर्दृष्टी व्हड बळगें दिवपी अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. श्री देवेगौडाक दीर्घ आनी भलायकेन भरिल्लें आयुश्य तांणी दिलें. आदले प्रधानमंत्री आयज 92 वर्सां पुराय जाले.

## हवामान

हवामान खात्यान आयजसावन फुडले 4 दीस राज्यांत वादळी वार्यासयत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.ते प्रमाण फुडल्या तीन दीसांखातीर पावसाचो यलो एलर्ट जालीं

केला.18 तें 23 मे मेरेन हलको पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.कार रातीं सत्तरी सयत हेर कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडलो.हवामान खात्यांत दिल्ल्या म्हायती प्रमाण आयज पणजेंत चडांत चड तापमान 33.05 अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 27.04 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला.जाल्यार मुरगांवात चडांत चड तापमान 34. अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान 27 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला.फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड तापमान 34 अशं ते उण्यांत उणे।27 अंश सेल्सियस इतलें उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.